Panaji

Regional News

13 dec 2025 7.20pm

सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार हाणी आधुनिक गोंयची बुन्याद घाली. तांणी सुरू केल्लीं उदरगतीचीं कामां आमच्या सरकारान पुराय केली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. शेनवारा पर्रीकार हांच्या जयंती निमतान मिरामार हांगच्या स्मारकाचेर फुलां भेटोवन मुखेलमंत्र्यांनी आर्गा ओपली. हे वेळार प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, उत्पल पर्रीकार आनी हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले.

भाजपा फुडारी मनोहर पर्रीकार हाणी नवे प्रकल्प सुरू केल्ले. काय प्रकल्प ते आसतानाच पुराय जाले. तांणी सुरू केल्लीं काय कामां हांवें पुराय केली अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. आयज आमी तांकां गोंय सरकारा वतीन आनी लोकां वतीन आर्गां ओंपतात.byte

स्व. पर्रीकार हांणी केल्लो वावर लोकांक सदांच याद उरतलो. मोपा विमानतळ, अटल सेतु सारके प्रकल्प गोंयांत हाडून गोंय आधुनीक केले, अशे प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी सांगलें. मनोहर पर्रीकार हे गोंयकारांचे भई म्हण चड परीचित आशिल्ले. तांमी केल्ली कामा आजुनुय लोकांच्य मतीत उरतली. दयानंद सामाजिक सुरक्षा, मनोहर इंटरनॅशनल विमान तळ, अटल सेतु सारखे महत्वाचे प्रकल्प तांणी तांच्या काराकीर्दीन चालीक लागले. तांचो आदर्श घेवपाइतके ते व्हड व्यक्तीमहत्व आशिल्ले अशे भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला.

जाल्यार खासदार तेजस्वी सुर्या हांणी सम्ती स्तलाचेर आरेगा ओपल्या उपरांत मनोहर प्रीकार गोयचे आधुनुकीकरण, वा बारताचे लश्कराचे मोडरनायजेशन तांची दुरदृस्टी आशिल्ले कर्मयोगी अशे फुडारी अशे म्हणला.

भाजप सरकारान 'म्हजें घर' येवजणे खाला घरा नांवार करपाक सुरवात केली. 2027 पयलीं चिंबलांतलीं सगळीं घरां नांवार जातली अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिलें.

जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्या प्रचारा निमतान इंदिरानगर- चिंबल हांगा सभा जाली. हे सभेत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत उलयताले. हे वेळार आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस, झेडपी उमेदवार गौरी कामत, चिंबलाचे सरपंच संदीप शिरोडकार आनी हेर पंच वांगडी हाजीर आशिल्लें.

काँग्रेस सत्तेत आसतना चिंबला 20 कलमी आनी हावसिंग बोर्डाचीं घरां मोडपाची आशिल्ली. पूण तेन्नाची आमदार व्हिक्टोरीया फर्नांडीस (मामी) हांणी तांकां विरोध केलो आनी ती घरां वाटयली. आता आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस भाजपात येवन म्हजे घर येवजणे खाला घरां वाटोवपा खातीर फुडे सरलां, अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हणले.

2027 च्या विधानसभा वेंचणुकेत लेगीत कमळाक मत मारात आनी जितली घरां अनियमित आसात ती सगळीं घरां नेमीत करून घेयात, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पिंटो बंडाच्या स्मरणार्थ पणजीतील साल्वाडोर डिसोझा गार्डन येथील पिंटो बंडाच्या हुतात्मा स्मारकार आर्गा ओपली. . याप्रसंगी मुख्य सचिव डॉ. व्ही. कांडावेलु , आयएएस, उत्तर गोवा जिल्हाधिकारी श्री अंकित यादव, आयएएस, पोलिस महानिरीक्षक श्री के.आर. चौरसिया, स्वातंत्र्यसैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास देसाई आणि इतर उपस्थित होते. पिंटो आनी गोंयच्या पाद्री आनी बुदवंतांचो पंगड हांच्या फुडारपणाखाल १७८७ वर्साचो पिंटो बंड हो वसाहतवादी जुलूमाआड धाडसी उठाव आशिल्लो. शेंकड्यांनी वर्सां पोरनी ही घटना आसली तरी ही चळवळ गोंयच्या प्रतिकाराची भावना आनी स्वाभिमान, समता आनी स्वातंत्र्याच्या सोदाची एक बळिश्ट याद म्हणून उबी रावता अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.पिण्टो बंडांच्या धैरान एक जाणविकाय पेटली, जी फुडें गोंय मुक्ती चळवळीक उर्बा दिवपी थारली. हो बंड आयच्य तरणायट्या पिळगेक लेगीत अन्याया आड कसो लठो दिवप तांचो आदर्श दिवपी आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

SIR सर्वेक्षणाउपरांत आता 1 लाख 78हडार मतदारांची नांवां मसुदो वळेरेतल्यान रद्द केल्यात. जाल्यार एस. आय. आर उपक्रमाअर्तंगत 10.84 लाख मतदारांचे मतदार वळेरीखातरीचे अर्ज एकठाय केल्यात असी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल

हंणी आयज  घेतिल्लया पत्रकार पीरशदेवेळार दिला. जाल्यार 1 लाख 78  मतदार स्थलांतरीत, मरण  आयिल्ले खातीर ,गैरहजर,  वा duplicates आशिल्लयाचे फांटभुयेंर मतदार वळेरीत  काडल्यात. आसपाव करुंक मेळुंक ना.  SIRप्रमाण नव्या मतदार वळेरीचो मसुदो 16 डिसेंबराक उक्तो करतले. हया वळेरीत जर काय सुधारणा करपाक जाय जाल्यार दोन म्हयन्याचो प्राच दवरला, जांची नावा कायं तंत्रिक कारणांखातीर रद्द जाल्यात तांका नांव मतदार वळेरीत घालपाक प्रक्रिया करपाक ह्या दोन म्हयन्यात मेळटले. 14 फेब्रुवारीक निमणी परीपक्क अशी मतदार वळेरी उजवाडायतले अशी म्हायती संजय गोयल हांणी दिल्या.राज्यात एकुंण 1731 मदतार केंद्र आसता अशे एस. आय.आर दरम्यान नोंदणी जाला अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दिल्या.तशेंच 1.82 लाख मतदारांचे मॅपिंग प्रलंबित अशील्याच तांणी म्हणला

चवथ्या स्थापन दिसा निमतान गोंयांतल्या अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्थान 11 आनी 12 डिसेंबराक कोलोरेक्टल कॅन्सराच्या एकत्रीत वेवस्थापनाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडली.ह्या उपक्रमांत आयुर्वेद तज्ञ, ऑन्कोलॉजिस्ट, संशोधक आनी भौशीक भलायकी तज्ञ एकठांय हाडून कोलोरेक्टल कॅन्सराचेर वैजकी नदरेन संबंदीत उपचार अल्गोरिदम तयार केलो. देशभरांतल्या तीस तज्ञांनी ह्या कार्यशाळेंत वांटो घेतलो, जी व्यापक शिक्षणीक संलग्नताय सुनिश्चीत करपा खातीर संकरीत मोडांत जाली.टाटा मेमोरियल सेंटर, मणिपाल हॉस्पिटल गोंय, दीनानाथ मंगेशकर हॉस्पिटल पुणे, सीसीआरएएस मुंबय, एआयआयए दिल्ली ह्या सारक्या संस्थांच्या तज्ञांनी आपली अंतर्दृष्टी सांगली.एआयआयएचे संचालक प्रदीपकुमार प्रजापती हांणी सांगलें, ही कार्यशाळे पुराव्याचेर आदारीत एकत्रीत ऑन्कोलॉजी घटमूट करपाचें म्हत्वाचें पावल थारलां. आयओसीआरसीची अध्यक्ष सुजाता कदम हांणी दुयेंती केंद्रीत, बहुविधा काळजी घेवपाचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्याचेर भर दिलो

फिट इंडिया संडेज ऑन सायकल हो भारत सरकाराचो  मुखेल उपक्रम फाल्या म्हणल्यारुच आयतरा गोंयांत  आयोजित केला अशी म्हायती sports authority of india चे उप संचालक मयांक  श्रीवास्तव हांणी पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या.फाल्या सकाळी पावणे सात वराचेंर मिरामार सर्कलाकडल्यान ही सर्त सुरु जातली. जाल्यार मिरामार सक्रल ते दोनापवला सक्रल ह्य वाठारात  ह्या सायकलिंग उपक्रमाचे आयोजन केला.सायकलिंग फेडरेशन ओफ इंडीया, आनी माय भारत, योगासना भारत हांच्य जोडपालवान जातले.जयपूर

आनी वाराणसींत दोन यशस्वी कार्यावळी उपरांत 14 डिसेंबर म्हणल्यारुच फाल्या ह्या उपक्रमाचे आयोजन गोंयात केला. कार्यावळीचे उक्तावण खेळा मंत्री रमेश तवडकर हांच्य हस्तुकी फाल्या जातले. लश्कराच्य जवानाची कामगिरीक नमन ह्या संकल्पनेचेंर ही सर्त जातली.ह्यावेलरा ओलम्पिक बोक्सर फेम जास्मिन लंम्बोरीया आनी मनीश कौशिक , नामनेचे तेलगु अभिमेते अली,तशेचं U20 Women's national football team ची मुखेल कोच मायमोल रोकी हाजीर रावतली.